**<u>नागरी संरक्षण संघटनेत भरती जावपाचो नागरीकांक उलो</u>**

ता. 20 जुलय 2020

गृह रक्षक आनी नागरी संरक्षण संघटनेत स्वंयसेवकांची भरती करपा खातीर संघटनेन मोहिम सुरू केल्या. शाळा/महाविद्यालयांचे विद्यार्थी, आदले एनसीसी छात्रसैनिक आनी निवृत्त सरकारी कर्मचाऱ्यांसयत खंयचोय नागरीक देश सेवेखातीर स्वंयसेवक म्हुण नागरी संरक्षण संघटनेत भरती जावपाक शकता.

उमेदवार भारतीय नागरीक, पिरायेची 18 वर्सां पुर्ण केल्लो, मुळावे शिकप पुर्ण केल्लो आनी शारीरिक आनी मानसिक भलायकेन सदृढ आसपाक जाय. दादलो आनी बायल उमेदवार अर्ज करपाक पात्र आसा.

पात्र उमेदवारांनी राज्यांतले तलाठी आनी नगरपालिका मंडळांच्या कचेरीत उपलब्ध आशिल्ल्या अर्ज नमुनो 'अ' तल्यान अर्ज करचो. उमेदवारांनी अर्जा वांगडा पिराय, राबीतो, शिक्षणीक पात्रतायेचो दाखलो आनी दोन फोटो सुपूर्द करचे.

पुराय भरील्ले अर्ज उमेदवारांनी ता. 14 ऑगस्ट 2020 मेरेन संबंदीत ग्रामपंचायतीचे तलाठी वा नगरपालिका मंडळाच्या कचेरीत सुपूर्द करपाक जाय.

म्हा /सप/ ऑपे / विगां/ 2020/398

--

DIRECTORATE OF INFORMATION AND PUBLICITY.
THIRD FLOOR,UDYOG BHAVAN,
NEAR AZAD MAIDAN, PANAJI GOA